## रेशीम धाग्या पासून दागिने तयार करपाचे कार्यशाळेचें उक्तावण

पणजीः ता. 11ऑक्टोंबर 2018

आश्विन18, 1940

कला आनी संस्कृती संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या रेशीम धाग्या पासून दागिने तयार करपाचे कार्यशाळेचें उक्तावण संस्कृती भवन, पाटो पणजे हांगा कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक श्री. गुरुदास पिळर्णकर हांचे हस्तुकीं जालें.

उक्तावण कार्यक्रमांत उलयतना श्री. पिळर्णकर हांणी सांगलें आयज शिक्षणा बरोबर दुसऱ्या तरेच्या कलेचें गिन्यान आसप अर्थीक दृष्टीन मदत करपाक गरजेचें थारता. आमी रेशीम धाग्या पासून जांयत्यो वस्तू तयार करपाक शकतात. कार्यशाळेंत वांटेकार जाल्ल्यांनी ही कला शिकून घेवपाक पुराय तरेन रमून घेवचें जाणे करुन फुडाराक वेवसायाचे नदरेन ते ही कला आपणावंक शकतले.

कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे पालवी लेखा अधिकारी श्री. उपदेश कोसंबे आनी हे कार्यशाळेची मार्गदर्शक श्रीमती. श्वेता सावर्डेकार ह्या वेळार हाजीर आशिल्ली.

हे कार्यशाळेची मार्गदर्शक श्रीमती. श्वेता सावर्डेकार हांणी आपल्या उलोवपांत आपूण फाटलीं धा वर्सां सावन टेलरींग वेवसायांत आसा आनी ह्या वेवसाया वरवीं फाटल्यां दोन वर्सां सावन रेशम धाग्या पासून दागीने तयार करता तशेंच दुसऱ्यांक शिकयता म्हणपाचें सांगलें. तांणी पुराय गोंयांतल्या सुमार 300 बायलांक ही कला शिकयल्या अशेंय तांणी आपल्या उलोवपांत सांगलें.

श्री. योगेश जोशी हांणी कार्यवळीचें सुत्रसंचालन केलें. कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे पालवी लेखा अधिकारी श्री. उपदेश कोसंबे हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

हे कार्यशाळेक उपाट प्रतिसाद मेळळा. तारीख 13 ऑक्टोबर दिसा समापन जावपी हे कार्यशाळेक गोंयच्यो विंगड विंगड भागांतल्यो एकूण 35 महिला वांटेकार जाल्यात.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/सुना/2018/1643